Panaji regional 5.5.2026 at 7.20 pm

- मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी गुइरीम ते एनएच पुल प्रकल्प स्थळा मेरेन तार/मोइरा न्हंयच्या उदकामार्गांत सुदारणा करपाच्या प्रकलपाच्या स्थानाक भेट दिवन तपासणी केली.
- गोव्यातल्या नागरिकांक सुरक्षित आणि स्वच्छ अन्न मेळ चे , हे सरकारचे प्राधान्य आसा अशे स्पष्ट करत भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे यांनी अन्नसुरक्षेच्या नेमाचे उल्लंघन केलयार खर कारवाय जातली अशे सांगला
- वाडट्या तापमानाचे फाटभुंयेर उश्णताय ल्हार ही एक गंभीर भौशिक भलयकी समस्या आसा. नागरिकांनी जागृत रावचें आनी गरजेची जतनाय घेवची अशें आवाहन भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी केला
- कळंगुट - बागा वाठारात अतिक्रमण केल्ली शॅका तशेच हेर बांदकामांचेर कारवाय करपाक पर्यटन खात्यान सुरवात केल्या.

Cm

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी डब्ल्यूआरडी मंत्री सुभाष शिरोडकर, आमदार केदार नायक, आनी उदका संसाधन खात्याच्या अधिकाऱ्यां वांगडा गुइरीम ते एनएच पुल प्रकल्प स्थळा मेरेन तार/मोइरा न्हंयच्या उदकामार्गांत सुदारणा करपा प्रकलपाच्या स्थानाक भेट दिवन तपासणी केली. हुंवार नियंत्रण, शेतवडी खातीर शिंपणावळ घटमूट करप, उदकाची उपलब्धताय सुदारप हातूंत हो प्रकल्पचो म्हत्वाचो वांटो आसा

Vishvajeet

गोव्यातल्या नागरिकांक सुरक्षित आणि स्वच्छ अन्न मेळ चे , हे सरकारचे प्राधान्य आसा अशे स्पष्ट करत भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे यांनी अन्नसुरक्षेच्या नेमाचे उल्लंघन केलयार खर कारवाय जातली अशे सांगला

आज  पणजी आणि बार्देश परिसरात KELLYA तपासणी मोहिमेत बेती हांगा   पर्यटन बोटींकडे  संबंधित बेकायदेशीर केटरिंग व्यवसाय उउकताडार आयलो  . तपासणीवेळार सापडले की पाच पुरवणदार FSSAI परवान्या बगर आणि अत्यंत अस्वच्छ परिस्थितीत अन्न तयार करताले . संबंधितांक  तात्काळ कामकाज बंद करपाचे आदेश दिल्यात .

तसेच बागा  हंगाय  कारवाय जाली  परत परत नेमानचे  उल्लंघन करपी  दोन बिर्याणी पुरवणदारांचेर  २५,००० रुपया दंड घालो , तर परवानो  नाशिल्ल्या किरकोळ दुकानाक 10 हजार रुपया दंड घालो

ते भायर  परवानो नासतना SNACK विकपि , घरगुती कॅटरर आनी बेकरी वेवसायांचेर बेगीनूच खाशेली अंमलबजावणी मोहीम सुरू करतले अशें राणे हांणी सांगलें.गोंयच्या लोकांचे भलायके कडेन तडजोड जावची ना, नेम पाळ नाशिल्ल्यांचेर खर कारवाय चालू उरतली अशें तांणी स्पश्ट केले

Vishvajeet 60

वाडट्या तापमानाचे फाटभुंयेर उश्णताय ल्हार ही एक गंभीर भौशिक  भलयकी समस्या आसा. नागरिकांनी जागृत रावचें आनी गरजेची जतनाय घेवची अशें आवाहन भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी केला  byte

राजेस

राज्यात उष्णतेक लागून जावपी त्रास लक्षात घेवन साखळे नगरपालिकेन साखळी पालिका वाठारात विंगड विंगड भागांनी बेवारशी कुत्री ,मांजरा तशेच पक्षांखातीर उदक आणि अन्नाची व्यवस्था केल्या .हो अभिनव उपक्रम  राबोवपाखातीर नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हीणें  पुढाकार घेतला. हे विषयी उलयताना नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हीणें

सांगले की राज्यात सध्या गर्मी प्रचंड प्रमाणात वाडल्या. मनशांवांगडाच कुत्री मांजरा तशेच पक्षांक ताचो त्रास जाता. हाची दखल घेवन साखळी नगरपालिकेन ही सोय केल्या.

गणेश

कळंगुट - बागा वाठारात अतिक्रमण केल्ली शॅका तशेच हेर बांदकामांचेर कारवाय करपाक पर्यटन खात्यान सुरवात केल्या. मंगळारा पुलीस बंदोबस्तात जे शॅकांनी अतिक्रमण केल्ले, तो मोडून ओडोपाक सुरवात केली. उच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण कारवाय सुरू आसा, अशी म्हायती पर्यटन खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी दिली. मिनीनो फर्नांडीस हांचे जनहित याचिकेचेर मुंबय उच्च न्यायालयान कळंगुट, बागा वाठारातल्या अतिक्रमणांचेर कारवाय करपाचे आदेश दिल्ले.कळंगुट - कांदोळी दर्यादेग वाठाराचेर 70 जाणांनी अतिक्रमण केलां, अशी म्हायती हाचे पयली पर्यटन संचालकांनी उच्च न्यायालयाक दिल्ली. ही कारवाय फाल्या लेगीत सुरूच उरतली.

गणेश

कर्मचारी भरती आयोगान अवल कारकून, म्हायती साहाय्यक, उद्येग निरीक्षक, स्टोर कीपर, पंचायत सचीव, तलाठी ह्या पदा खातीर घेतिल्ल्या पयल्या सीबीटीचो हंगामी निकाल जाहीर केला. निकाल आयोगाच्या संकेतथळाचेर आसून निकालाविशीच्यो कागाळी वा हरकती इमेलाचेर घेवचे नात. कागाळीविशीचो अर्ज भरून तो शुल्कासयत 7 मे मेरेन सादर करचो पडटलो

राजेश 70

आयज आकाशवाणीच्या खबराकारांकडेन उलयताना दिवचल नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हाणीं सांगले की एप्रिल महिन्यात दिवचल नगरपालिका वाटारातल्या सगळ्या प्रभागांनी पावसा आधीच्या कामांक सुरुवात जाल्या.हातुत गटारा उसपप, पारंपरिक व्हाळ साफ करप,विंगड विंगड भागात आशीललयो बांयों साफ करप,येरादारीक अडचण करपी झाडा कापप तशेच हेर गजालींचो आस्पाव आसा.पावसा आदीं ही कामां पुराय जातलीं अशीं म्हायतीं ताणीं मुखार दिली.

प्रसाद 100

'कोंकण फ्रूट फिएस्टा २०२६ हो फळ महोत्सव ह्या वर्सा १५, १६ आनी १७ मे २०२६ दिसा नावेली हांगाच्या रोझरी हायस्कुलाच्या मैदानार सकाळीं १०:०० ते रातीं ८:०० मेरेन आयोजीत केला.

ह्या कार्यक्रमाचें आयोजन 'अ‍ॅग्रिकोस माजी विद्यार्थी संघटनेन' नावेली हांगाच्या 'आवर लेडी ऑफ रोझरी चर्च' हांच्या सहकार्यान केलां. ह्या महोत्सवांत कृषी संचालनालय, गोंय कृषी महाविद्यालय, औषधी वनस्पती मंडळ, शेतकरी उत्पादक संस्था आनी हेर सरकारी संस्थांचोय सहभाग आसतलो.

सुभाष

राज्यांत १५ हजार ५०० परस चड लोकांक ‘प्रधानमंत्री मत्स्य संपदा येवजणे’ खाला विमो सुरक्षा कवच मेळळां. नुस्तेंमारी वेवसायांत वावुरपी व्यक्तींक समाजीक सुरक्षा दिवपाच्या हेतान ही येवजण चालीक लायतात. हे येवजणे खाला दर्यांतल्या आनी भितरल्या उदकांत नुस्तेमारी करपी नुस्तेकार आनी संबंदीत कामगारांक गट अपघात विमो कव्हर दितात.

सुभाष

इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेन 'अभिजीत सांज' ही  सांगितिक कार्यावळ घडोवन हाडल्या.बुधवार ६ मे दिसा सांजेच्या ४.०० वरांचेर इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा कॉन्फरन्स सभाघरांत ही कार्यावळ जातली.

प्रसाद

डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर हांणी जिद्द आनी परिश्रमाच्या बळार उबें केल्लें अलौकिक कर्तृत्व युवकां खातीर प्रेरणादायी आसा. स्पर्धात्मक युगांत मेळपी संदींचो योग्य उपेग करून तरणात्यानी आपलो फुडार घडोवचो, अशें प्रतिपादन जलस्रोत मंत्री तशेंच शिरोडेचे आमदार सुभाष शिरोडकर हांणी केलें.
आनंदवाडी-शिरोडा हांगा डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर कृती समिती गोवा आयोजीत  कार्यावळींत मुखेल सोयरे म्हणून ते उलयताले.

स्पोर्ट्स

**प्रसाद**

उसगांवांत आनीक एक मैदान बांदपा खातीर उसगांव कोमुनिदाद कडेन जागो मागला. सगळ्या दृष्टिकोनांतल्यान सत्तरी आनी उसगांवाचो विकास सादतले, अशें प्रतिपादन मंत्री विश्वजित राणे हांणी उसगांव  हांगा विश्वजित राणे चशक २०२६ क्रिकेट सर्तीच्या इनामां वांटपाच्या कार्यावळींत उलयतना केलें.

विश्वजित राणे चशक २०२६ क्रिकेट सर्तींतल्या जैतिवंतांक मंत्री विश्वजित राणे हांच्या हस्तुकीं इनामां वांटलीं. हे सर्तींत जैतिवंत संघ मॅच फिक्सिंग कारापुर, उपजैतिवंत संघ दत्ता वलासेस असनोडा, उपांत्य फेरींत हारिल्ले संघ साई गणेश रॉयल तिस्का, बालभूषण एलेवेन सावईवेरे हांकां पारितोषिकां मेळ्ळीं.

- मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी गुइरीम ते एनएच पुल प्रकल्प स्थळा मेरेन तार/मोइरा न्हंयच्या उदकामार्गांत सुदारणा करपाच्या प्रकलपाच्या स्थानाक भेट दिवन तपासणी केली.
- गोव्यातल्या नागरिकांक सुरक्षित आणि स्वच्छ अन्न मेळ चे , हे सरकारचे प्राधान्य आसा अशे स्पष्ट करत भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे यांनी अन्नसुरक्षेच्या नेमाचे उल्लंघन केलयार खर कारवाय जातली अशे सांगला
- वाडट्या तापमानाचे फाटभुंयेर उश्णताय ल्हार ही एक गंभीर भौशिक भलयकी समस्या आसा. नागरिकांनी जागृत रावचें आनी गरजेची जतनाय घेवची अशें आवाहन भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी केला
- कळंगुट - बागा वाठारात अतिक्रमण केल्ली शॅका तशेच हेर बांदकामांचेर कारवाय करपाक पर्यटन खात्यान सुरवात केल्या.